Akashwani Panaji National news 12 March 2025

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मॉरिशस हें भारत आनी जागतीक दक्षिण हांचे मदलो म्हत्वाचो सेतु आसा  अशें वर्णन केलां. काल रातीं पोर्ट लुईसांत भारतीय प्रवासींक मार्गदर्शन  करतना तांणी  2015 वर्सा मॉरिशसाक  केल्ले भेटी वेळार पयलेच खेपे  मॉरिशस भारताच्या सागर उद्दिष्टाक महतवाचो आशीललयचो ताणी  जाहीर केले . मॉरिशस हो फकत भागीदार देश न्हय तर  भारताच्या कुटुंबांतलो एक भाग अशें प्रधानमंतत्रयाणी  सांगलें. इतिहास, दायज आनी मनशाच्या आत्म्यांत हें बंधन खोल आनी घटमूट रुजलां अशें ताणें मुखार सांगले. प्रधानमंत्री  मोदी हांच्या भाशणांत हिंद म्हासागराच्या वाठाराची सुरक्षीतताय करपाच्या सहकार्याच्या यत्नांचेरूय भर दिल्लो. मॉरिशसाचे व्हड दर्यावेले प्रदेश आशिल्ल्यान प्रधानमंत्रीयनी बेकायदेशीर नुस्तेंमारी, चोरी , दर्यावेल्या गुन्यांवांक आडावपा खातीर भारताची विस्वासपात्र इश्ट देश म्हूण जपसलदारकेचेर ताणी  भर दिलो. पोर्ट लुईसांत मॉरिशसांतल्या आपल्या समकक्ष नवीन चंद्र रामगूलम हांचे कडेनय उत्पादक उलोवणी करून दोनूय देशां मदल्या भागीदारीची जाणीव करून दिली . दोनूय फुडाऱ्यांनी द्विपक्षीय संबंद, चालू आशिल्ल्या सहकार्याचो नियाळ घेतलो आनी दोनूय राश्ट्रां मदलें खाशेलें नातें आनीकय उंचायेचेर व्हरपा खातीर नवे मार्ग सोदून काडले. बसके वेळार संरक्षण, सुरक्षा, अर्थीक संबंद, संस्कृतीक आदान-प्रदान अशा मुखेल क्षेत्रांची  मुखेलपणान चर्चा जाली .आयज मॉरिशसाच्या राश्ट्रीय दीस उत्सवांत प्रधानमंत्री मोदी मानाचे सोयरे आसतले.

---

---

पंजाब सरकारान  मोहाली हांगा, काल सांजवेळार आयोजीत केल्ल्या नागरी एवकर सुवळ्याक राष्ट्रपति द्रौपदी मुर्मू  हाजीर रावलयो . ह्या वेळार उलयतना ताणी गुरूच्या आशीर्वादान आनी प्रेरणेंतल्यान पंजाबाच्या भुंयेन हुतात्मा आनी क्रांतीकारी जल्माक आयल्यात आशे ताणी सांगले . देशाच्या स्वातंत्र्य संघर्शाचे म्हत्वाचे अध्याय ताचे मातयेचेर बरयल्यात आशेय  ताणी सांगले. वेगवेगळ्या मळार राज्या कडल्यान अफाट सहभागाचेर उलयतना राष्ट्रपती हांणी , पंजाबांतल्या पुरोगामी

शेतकारांनी आपल्या कश्टान पाचवी क्रांती यशस्वी केली आनी देशाक अन्न सुरक्षा दिली आशी म्हायती ताणी दिली . राज्यांतले शेतकार आनी शेतकी शास्त्रज्ञ परत एक फावट शेतकी मळार पुराय राष्ट्राक फुडारपण दितले आनी पर्यावरणाक अनुकूल शेती आपणायतले असो विस्वास ताणी उक्तायलो.राष्ट्रपतीचे भेटेक लागून दरेक पंजाबी उमेदीन  आसा अशें मुखेल मंत्री भगवान सिंग मान हांणी सांगलें. तिचें जिवीत आमकां सगळ्यांक प्रेरणा दिवपी अशें तांणी मुखार सांगलें.आयज चंडीगढांत पंजाब विद्यापिठाच्या बयत्तराव्या  दीक्षांत समारोहांत राष्ट्रपती मार्गदर्शन करतलयो.

---

---

लोकसभेन 2024-25 वर्सा खातीर अनुदानाची पूरक मागणी (दुसरो गट), 2021-22 वर्सा खातीर अतिरिक्त अनुदानाची मागणी, 2025-26 वर्सा खातीर मणिपूर अर्थसंकल्प, आनी 2024-25 वर्सा खातीर मणिपूर खातीर अनुदानाची पूरक मागणी मान्य केल्या.काल सभाघरांत जालल्या भासभासेक जाप दितना अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी , मणिपूराची अर्थवेवस्था बेगीन बरे जावपाक आदार दिवपा खातीर केंद्र पुराय अर्थीक मजत दिता आशे सांगले . तशेंच मणिपूराक आकस्मीक निधी स्थापन करपा खातीर 500 कोटी रुपयांचो कॉर्पस जाहीर केला . तशेंच घर मंत्रालयाच्या खाशेल्या पॅकेजी खाला मजत शिबिर कार्यावळी खातीर आनी बाधितांक आदार दिवपा खातीर 400 कोटी रुपयांची वेवस्था केल्या.  गरज पडल्यार फुडली मजत दिवपाचीय  मंत्री सीतारामन हांणी सभाघरांत कळईले .नियोजीत वेवसाय पुराय जाले उपरांत सभाघर आयज मेरेन स्थगीत उरतले .

---

युक्रेनान बेगोबेग आनी अंतरीम 30 दिसांचो युद्धविराम दिवपाच्या प्रस्तावाक अमेरिकेन  मान्यताय दिल्या . अमेरिकेन गुप्तचर म्हायती वांटप आनी युक्रेनाक लश्करी मजत दिवपाचेरय विराम काडला.अमेरिकेचो विदेश सचीव मार्को रुबियोन साउदी अरेबियाच्या जेद्दा हांगा युक्रेनियन अधिकाऱ्यां कडेन बसके उपरांत पत्रकारांक हे घडणुकेची म्हायती दिली. अमेरिकेच्या संयुक्त संस्थानांनी जारी केल्ल्या निवेदनांत म्हणलां की, युक्रेन कंपनीन बेगोबेग, अंतरीम 30 दिसांचो

युद्धबंदी करपाचो प्रस्ताव मान्य करपाची तयारी उक्तायल्या आनी हो पक्षांच्या परस्पर कबलाती वरवीं वाडोवंक मेळटा.

---

तेलंगणा विधानसभेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन आयज राज्यपाल जिष्णू देव वर्मा हांच्या विधान मंडळाच्या आनी विधीमंडळाच्या दोनूय संयुक्त अधिवेशनांत मार्गदर्शन करून सुरू जातलें. ह्या मार्गदर्शना खातीर दोनूय घरांचे वांगडी विधानसभा सभाघरांत जमतले. अधिवेशनांत राज्यांतलें काँग्रेस सरकार दुसरें वर्सुकी अर्थसंकल्प थारायतलें. ते भायर राज्यांत मागास वर्गांचो आरक्षण कोटा 42 टक्क्यां मेरेन वाडोवपा खातीर विधेयक हाडपाचोय प्रस्ताव सरकारान मांडला. होळी खातीर थोडो विसव घेतल्या उपरांत 19 मार्चाक राज्याचें अर्थसंकल्प सादर करपाची शक्यताय आसा. आयज राज्यपालाच्या मार्गदर्शना उपरांत सभापती वेवसाय सल्लागार समितीचे बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले आनी अधिवेशनांत घेवपाच्या वेवसायाचेर निर्णय घेतले.ह्या अधिवेशनांत विरोधी पक्ष फुडारी आनी बीआरएसचे अध्यक्ष के चंद्रशेखर राव सभाघरांत हाजीर रावपाचे आसात. केसीआर ह्या नांवान लोकप्रिय आशिल्ले हे कंपनीन काल बीआरएस विधीमंडळ पक्षाची तीन वरां चलपी बसका घेतली. अर्थसंकल्पीय अधिवेशनांत केसीआर नेमान सभाघरांत हाजीर रावपाची म्हायती बीआरएस पक्षाचे कार्यकर्ते अध्यक्ष के ताराकरामा राव हांणी दिली. शेतांत उबीं पिकां सुकप, पिवपाच्या उदकाचो उणाव, वीज उणाव अशे प्रस्न बीआरएसान शेतकारांक त्रास दिवपी प्रस्न उप्रासपाची शक्यताय आसा. आमदार आनी एमएलसींक सामान्य लोकांचे प्रस्न मांडपाक सांगल्यात आनी आदल्या बीआरएस सरकाराचेर केल्ले आरोप नकरपक सांगल्यात

---

अन्न नियंत्रक एफएसएसएआय भारतीय अन्न सुरक्षा आनी मानक प्राधिकरण हांणी काल राज्यांक मार्चांत चालू सणाचो हंगाम लक्षांत दवरून दूध उत्पादनाचेर पळोवणी वाडोवपाक सांगलां. चालू सणाचो हंगाम लक्षांत दवरून मार्च म्हयन्याभर दुग्ध एनालॉगांचेर पळोवणी वाडोवपाचे निर्देश एफएसएसएआयन सगळ्या राज्यांक आनी केंद्रीय प्रदेशांक दिल्यात," अशें मंगळारा निवेदनांत म्हणलां. मागणी

वाडिल्ल्या काळांत अन्नधान्याची मिलावटी आनी चुकीचें लेबलिंग आडावपाचो ह्या उपायाचो हेतू आसा अशें तांणी जोडलां.

---

भारतीय बायलां कबड्डी पंगडाक 6 व्या आशियाई बायलां कबड्डी वस्तादपण सरतींत  खिताब मेळेले उपरांत युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री मनसुख मंडाविया हांणी तंचो भोवमान केलो. तशेंच ह्या पंगडाक मेळिल्ल्या यशाची परब मनोवपा खातीर मंत्रीमंडळान 67 लाख 50 हजार रुपया रोख पुरस्कार दिवपाची घोशणा केली. परबी  उपरांतच्या उलोवपांत  मंत्री मांडवीया हाणी  बायल खेळगड्यांक आदार दिवपा खातीर सरकार सगळे यत्न करतलें अशें सांगलां.  दादल्यांच्या लीगा प्रमाण, सरकार बायलांक चड संदी मेळोवपा खातीर बायलांची कबड्डी लीग सुरू करतलें आशे ताणें फुडें उक्तायलें. इराणांतल्या तेहरानांत 6 ते 8 मार्च मेरेन जाल्ल्या ह्या वस्तादपण सरतींत भारतीय पंगडान निमाणे मॅचींत यजमान पंगड इराणाचेर जैत मेलोवण आनी 32-25 असो गूण मेळोवन आपलो खिताब येसस्वीपणान राखलो.

---

भारतीय  हवामान खात्यान आयज तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, केरळ, आनी माहे हांगा  एकसुरे सुवातेर पावस पडपाचो अदमास उक्तायला . हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण फुडल्या तीन दिसांत अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालयांतय व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. तशेंच  गुजरात आनी नैऋत्य राजस्थानांत  उश्णतायेच्या ल्हारांची परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा, जाल्यार फुडल्या दोन दिसांत ओडिशा आनी विदर्भा हांगा उश्णताय ल्हारांची परिस्थिती आसतली अशें  हवामान खात्यान कळीत केला . दक्षिण केरळ दर्यादेगेर आनी  तशेंच लागसारच्या लक्षद्वीप, मालदीव वाठारांनी, कोमोरीन, आनी मन्नार आखातांत वाऱ्याचो वेग वराक 35 ते 45 किलोमीटर अशी खर हवामानाची शिटकावणी  दिल्या.

---